राज्यपालाकडल्यान गोंय घटक राज्य दिसाची परबीं

**ता. 29 मे 2021**

गोंयचे राज्यपाल श्री भगतसिंह कोश्यारी हांणी गोंयच्या लोकांक गोंय घटक राज्य दिसाची हुनहुनीत परबीं भेटयल्या.

राज्यपाल आपल्या संदेशात म्हणटात, 34 वर्सापयली 30 मे दिसा गोंयचे कें‌द्र शासीत प्रदेशापासून भारतीय संघराज्यात रूपांतर जाले. 1967 त जनमत कौलापासून सुरू जाल्ल्या दीर्घकाळाच्या आनी कठीण प्रयत्नांतल्यान गोंयांक स्वतंत्र आनी वेगळी वळख मेळ्ळी. ह्या उमेदीच्या प्रसंगार आमी गोंयांक घटक राज्याचो दर्जो मेळपाखातीर योगदान दिल्ल्या सगळ्यां फुडाऱ्यांक, विचारवंताक आनी गोंयच्या समेस्त लोकांचो उगडास करूया. राज्याच्या राजकीय इतिहासात घटक राज्य दर्जाक खुप म्हत्वआसा.

गोंय राज्य लोकांच्यो सामाजिक-आर्थिक आकांक्षा पूर्ण करपाखातीर प्रभावीपणाऩ काम करीत आसा. देशांतल्या सगळ्यांत चड विकसीत राज्यांमदी गोंयचो क्रमांक लागता हाचो सगळ्यांक अभिमान आसपाक जाय. देशांत गोंयचे दरडोई येणावळ अदीक आसा, हीवूय अभिमानाची गजाल आसा. फाटल्या अनेक वर्सासावन सरकारान अनेक कल्याणकारी येवजणो राबोवन रस्ते, रेल्वे, विमानतळ, पूल ह्या सारख्यों पायाभूत सुविधा उपलब्ध करून राज्याच्या उदरगतीखातीर सरकारान नेटान काम केल्ले आसा.

19 डिसेंबर 2020 दिसा गोंय मुक्तीच्या 60 व्या वर्स दिस सुवाळ्यात उलयताना भारताच्या राष्ट्रपतींन गोंयांत लागू आशिल्ल्या समान नागरी कायद्याची तोखणाय करून तेहा गजाल अभिमानाची आशिल्ल्याचे म्हटले. ह्या वर्सा मार्च म्हयन्यात सरकारन पर्वरी हांगा प्रतिश्ठत आशा नवीन उच्च न्यायालय संकुलाचे काम पूर्ण करून ताचे उक्तावण केले. प्रधामंत्र्यानी केल्ल्या -आत्मनिर्भर भारत आव्हानाच्या अनुषंगान सरकारन २०२० वर्सा "स्वयंपूर्ण गोंय" मोहिम सुरू केली आसा.

ह्या मोहिमे अंतर्गत सरकार आनी जनतेमदले अंतर कमी करप आनी सरकारी योवजणो आनी प्रशासन लोकांच्या दारामेरेन व्हरपाच्या उद्देशान सरकारी कर्मचार्यांक स्वयंपूर्ण मित्र म्हणून नियुक्त केल्ले आसा.

फाटल्या कांय वर्सांत केल्ल्या गोंयच्या प्रगतीचे आनी समृद्धीचे श्रेय राज्यातली शांतीकाय आनी सलोख्याच्या वातावरणाक फावता. गोंयचे लोक तांचे आदरातिथ्य आनी सामाजिक इश्टागतीखातीर फामाद आसात. गोंय संवसारभरांतल्या पर्यटकांचे आकर्शण आसा. हांगाचे सैमीक सौंदर्य, समृद्ध वनस्पती आनी जीवसृष्ट आनी चैतन्यमय संस्कृती फामाद आसा. पर्यटन क्षेत्राक चालना दिवपाखातीर सरकारन नवीन पर्यटन धोरण- 2020 चालीक लायला.

राज्यपाल फुडे म्हणटा, मार्च २०२० सावन देशांत कोविड -19 संसर्ग देशभर पातळ्ळो आनी त्याखातीर देशाच्या सामाजिक-आर्थिक प्रगतीक खिळ बसली. लोकांक ह्या म्हामारीच्या संसर्गापासून वाचोवपाखातीर सरकारन विविध उपाययेवजणो केल्ल्यो आसात. पर्यटन उक्ते केल्ले पुण मार्च 2021त विशाणूची दुसरी लाट आयली आनी संक्रमण आनी मरणाचे प्रमाण वाडपाक लागले आनी हाचेर नियंत्रण दवरपाखातीर सरकाराक नवीन आनी गंभीर आव्हानांक तोंड दिवचे पडला. म्हामारीक लागून अनेकांचो बळी गेलो. पुण समाधानाची गजाल म्हळ्यार आमच्या कोरोना वॉरियर्स, खास करून डॉक्टर, नर्सी, फ्रंटलायन वर्कर्स आनी हेरांच्या अथक आनी समर्पित सेवेक लागून बऱ्याच लोकांचो जीव वाचलो. सरकारावतीन भलायकेच्या मळार आवश्यक पायाभूत सुविधांचो विस्तार करून, जायती उपकरणां उपलब्ध करून, अतिरिक्त कर्मचार्री वर्गाची नेमणूक करून, गरजेची वखदां उपलब्ध करून तशेंच टीका उत्सवावरवीं लोकांचे लसीकरण करून ह्या संकटाच्या काळांत योग्य व्यवस्थापन खातीर प्रशासनान सगळेतरेन प्रयत्न चालू आसात.

राज्यपाल म्हणटा, कोरोनाच्या संकश्टाक पयस करपाखातीर आमचो सगळ्यांचो सहभाग आनी योगदान आवश्यक आसा. मास्क

घालून, सामाजिक अंतरांचे पालन करून आनी नितळसाण राखून लोकांनी सुरक्षा उपायांचे पालन करप चड महत्वाचे आसा. म्हामारी कमी जाली की अर्थव्यवस्था, खास करून पर्यटन आनी खण वेव्यवसाय सूरू करपाक सरकार उत्सुक आसा. आमी सगळ्यां आव्हानांचेर मात करुन प्रगती आनी उदरगतीच्या दिकेन आमची वाटचाल फुडे चालू दवरूया.

गोंय घटक राज्य दिसानिमतान हांव गोंयच्या म्हज्या सगळ्यां भावांभयणांक काळजासावन परबीं भेटयता. भांगराळ्या गोंयचे सपन साकार करपाखातीर आमी सगळ्यांनी समर्पित भावनेन वावर करपाचो सोपूत घेवया, अशें राज्यपाल म्हणटात.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/491

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji